# इफ्फींच्या कार्यक्रमं स्थळांलागी जमाव बंदी

ता. 20 जानेवारी 2021

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान पणजी पुलीस स्टेशन आनी आगशी पुलीस स्टेशनाच्या क्षेत्राखाला येवपी गोंयच्या वाठारांनी आयोजीत 51व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय फिल्म महोत्सवाच्या कार्यक्रम स्थळांसावन सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं, तरसादीं, भालें वा सुऱ्या सारखी शस्त्रां लागीं बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक, पेट्रोलपंप, सभेचे स्थळ आनी हेर जाग्यांचेर माराण लावपाक बंदी लागू केल्या.

कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंतविधी वा खंयचोय खास प्रसंग वा जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांच्या मताप्रमाण विश्वसनीय प्रसंग जाका संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी वा उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांकडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना.

हो आदेश 24 जानेवारी 2021 मेरेन लागू उरतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/88

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity